Rajashri kamat  pradeshik khbro  30.11.2025 @ 7.25 am

रश्मी   130

गोंयांतल्या 50 जिल्हा पंचायत मतदारसंघाखातीर 20 डिसेंबराक मतदान जातलें. वेंचणुकेची आचारसंहीता काल सावन  लागू जाल्या, अशें राज्य वेंचणूक आयुक्त मिनीन डिसोझा हांणी सांगलें.

राज्य वेंचणूक आयुक्त मिनीन डिसोझा हांणी  पत्रकार परिशदेत वेचणुकेचे वेळापत्रक जाहीर केले. 1 ते 9 डिसेंबर मेरेन अर्ज भरपाची मुजत आसतली. 10 डिसेंबराक अर्जाची छाननी जातली. 11 डिसेंबराक अर्ज फाटीं घेवपाची तारीख आसतली आनी त्याच दिसा दनपारां उमेदवारांची वळेरी जाहीर करतले. 20 डिसेंबराक मतदान जातलें आनी 22 डिसेंबराक निकाल जाहीर जातलो.

1 ते 9 डिसेंबर सकाळीं 10 ते दनपारां 1 वरां मजगतीं वेंचणूके खातीर अर्ज भरपाक मे ळटले. हो अर्ज भरपाचो काळ सात दिसां खातीर आसतलो. 3 डिसेंबर ही भौशिक सुट्टी आनी 7 डिसेंबर आयतार आशिल्ले कारणान ह्या दिसा अर्ज भरपाक मेळचें ना अशें डिसोझा हांणी सांगलें. आचारसंहीतेच्या कार्यवायेचेर नदर दवरपा खातीर आयोगान घोळटे पंगड आनी स्थिर पाळत पंगडाची वेवस्था केल्या.

गणेश   80

इफ्फींतल्या रोमटामेळ सर्तीचो निकाल जाहीर जावन  सुयोग शिमगोत्सव मंडळ, आडपय, आगापुर फोंडा ह्या पंगडाक 3 लाखाचे पयलें इनाम फावो जालें. श्री शांतादुर्गा बाब्रेश्वर युवक संघ, कळंगुट हांकां 2.50 लाखाचे दुसरें जाल्यार श्री पाईकदेव शिमगोत्सव समिती, सांगें हांकां 2 लाख रुपयांचें तिसरें इनाम फावो जालें. ही सर्त 21, 25 आनी 26 नोंव्हेंबराक जाल्ली.

अंदू आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचें उक्तावण वेगळे तरेन जालें. शिगमो आनी कार्निवलाची झलक प्रदर्शीत करुन पोरणें सचिवालय ते मन रिजवण संस्थेच्या इमारती मेरेन चित्ररथ मिरवणूक जाली. कांय पंगडानी गोंयची संस्कृती आनी वेगवेगळ्या कलेचें सादरीकरण केल्ले.

गणेश 100

राज्यात मुळाव्या शेतकरी क्रेडीट सोसायटींचो आंकडो वाडपा सयत तांकां वेवसायीक मळार नवें उपक्रम सुरू करपाक मेळटलें. 2029 मेरेन गोंयच्या दरेक गावांत शेतकरी क्रेडीट सोसायटी जातली. तशेंच जनऔशधी केंद्र, गॅस एजन्सी, पॅत्रोल/डिजेल विक्री अशें वेवसाय करपाची संद तांका मेळटली. हे उद्दीश्ट साध्य करपा खातीर सहकार खात्यान तरेकवार खात्यांच्या अधिकाऱ्यांची समिती स्थापन केल्या. राज्याच्या सगळ्या पंचायत वाठारांनी उण्यांत उणीं एक तरी शेतकरी सोसायटी वा क्रेडीट सोसायटी आसपाक जाय. तांचो वेवहार वाडपाक जाय, अशें केंद्रीय सहकार मंत्रालयाचे धोरण आसा. ह्या धोरणाची कार्यवाय गोंयांत लेगीत सुरू जातली, अशें सहकार मंत्री सुभाष शिरोडकार हांणी सहकार सप्तका वेळार स्पश्ट केल्लें. सहकार सचीवांच्या फुडारपणा खाला समन्वय समिती स्थापन जाल्या.

डेस्क 50

वेचणूक वेळेरेतली खाशेली सघन सुदारणा (एसआयआर)च्या दुसऱ्या पावडयार 99.53 टक्के मतदारांकं गणना फॉर्म वांटल्यात अशें वेंचणूक आयोगान सांगलां. आतां मेरेन 50 कोटी 73 लाखां परस चड मतदारांक गणना फॉर्म वांटल्यात.तशेच वट 40 कोटी अर्जचे डिजिटायझेशन केला अशें आयोगान सांगलें. ह्या म्हयन्याच्या चार तारखेक णव राज्यांनी आनी तीन केंद्रशासीत प्रदेशांनी एस आय आर चो दुसरो टप्पो सुरू जालो.

mkb 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात’ कार्यावळीचो हो 128 वो भाग . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपा वरवी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली

स्पोर्ट्स 25

ललित यादवाची आक्रमक फलंदाजी आणि वासुकी कौशिक, अर्जुन तेंडूलकर आणि दर्शन मिसाळ हांच्या प्रभावी खेळान सय्यद मुस्ताक अली करंडक टी २० क्रिकेट सरतीत गोयान चान्दिगडाचर ५२ धावडयांनी जैत जोडले.

वेदर ३०

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान ३3.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान २4.६ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलके ते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला